# मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं डिजिटल डायबेटीस रजिस्ट्रीचो शुभारंभ

ता. 9 ऑगस्ट 2019
18 श्रावण 1941

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे शारांत आयोजीत कार्यक्रमात नोवो नोर्डिक्स एज्यूकेशन फाऊंडेशनच्या सहभागान तयार केल्ल्या देशातल्या पयल्या डिजिटल डायबेटीस रजिस्ट्रीचो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना डॉ. सावंत हांणी डिजिटल डायबेटीस रजिस्ट्री तयार करपी गोंय हे देशातले पयले राज्य आशिल्ल्याचे सांगून ही रजिस्ट्री तयार करपा खातीर भलायकी मंत्री आनी दोतोरांनी केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली. राज्यात डायबेटीस दुयेंतीचे प्रमाण कमी करपा खातीर सगळ्यांनी एकवटान यत्न करपाचो उलोय मुख्यमंत्र्यानी मारलो.

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी गोंयात गोडेमुताच्या दुयेंतीचो आकडो वाडटात आशिल्ल्याचे सांगून गोडेमुताचे दुयेंस मनशाक हळूहळू मारून उडयता, त्या खातीर ह्या दुयेंसाक नियंत्रणात दवरपाक प्रत्येकांन खाणा-जवेणा बाबतीत काळजी घेवपाक जाय तशेंच नेमान व्यायाम करपाक जाय, अशें भलायकीं मंत्र्यानी सांगले.

आदले म्हान क्रिकेट खेळगडे आनी नोवो नोडिक्सचे ब्रॅण्ड अम्बसिडर श्री. अनिल कुंबळे हांणी गोंयच्या लोकां खातीर सूरू केल्ल्या डिजिटल डायबेटीस रजिस्ट्रीच्या वावराचो आपूण भागीदार जाल्ले खातीर समाधान उक्तावन अशें लोककल्याणाचे पावल उबारिल्ले खातीर सरकारचे अभिनंदन केले. बदलती जीणेशैली, व्यायामाचो अभाव आनी हेर कारणांक लागून गोडेमुताचे दुयेंस जाता आनी ते खातीर लोकांनी योग्य खाण-जेवण, व्यायाम आनी दोतोरांच्या सल्ल्याप्रमाण उपचार घेवपाचो सल्लो दिलो.

सुरवेक भलायकी सेवा संचालक डॉ. जुजे डिसा आणि मानेस्तांक येवकार दिलो.

नोवो नोर्डिक्स एज्यूकेशन फाऊंडेशनचे वेवस्थापकीय ट्रस्टी श्री. मेल्विन डिसौझा हांणी डायबेटीस दुयेंस आनी रजिस्ट्रीविशी म्हायती दिली.

श्रीमती फातिमा डिसौझा आनी श्री. गुरूनाथ नाईक ह्या गोडेमुताच्या दुयेंतीनी आपले अणभव सांगले.

भलायकी सचिव श्री. अशोक कुमार, गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डिन डॉ. शिवानंद बांदेकर, डॉ. अंकुश देसाय, डॉ. एडविन गोम्स, अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याच्यो संचालीका श्रीमती ज्योती सरदेसाय आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

कु. मेखला भट हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/485

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA